# नाविकांक कळोवणी

ता. 16 एप्रिल 2025

मुंबयच्या ओपन व्हॉटर स्विमिंग अकॅडमी इंडिया हांणी मांडवी न्हंयत करंजाळे बीच वाठारांत 19 आनी 20 एप्रिल दिसा गोवा अक्वेटिक क्रावन 2025- ओपन व्हॉटर स्विमिंग चॅम्पियन सर्त आयोजीत केल्या. ह्या पेंवपा सर्तीक कसलीच आडखळ येवची न्हय म्हुण कॅप्टन ऑफ पोर्टस खात्यान मांडवी न्हंयत वयल्या वाठारांतल्यान येरादारी करपी सगळ्यों बोटी, उदकाखेळ बोटी, पनेळ, फेरीबोटीं, नुस्तेमारी बोटीं आनी हेर यांत्रिकीं आनी बिनयांत्रिकीं नाविकांक 19 एप्रिल दिसा सकाळी 7.00 ते दनपारां 2.00 वरा मजगती आनी 20 एप्रिल दिसा सकाळी 7.00 ते दनपरां 1.00 वरा मजगती बारीक नदर दवरून, सवकसायेन येरादारी करपाची आनी गरज पडली जाल्यार सुरक्षीत अंतराचेर थांबपाची, तशेंच गस्तीचेर आशिल्ल्या बोटीवयल्यान तांबडो बावटो दाखोवन दिवपात येवपी सुचोवण्यांक पाळो दिवपाची सुचोवणी दिल्या.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/360

--
------------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.